Aakashwani Panaji National 8.40 am 20 February 2025

---

रेखा गुप्ता ही दिल्लीची नवी मुख्यमंत्री जातली. बुधवारा सांजवेळा नवी दिल्लींत दिल्ली भाजपा विधीमंडळ पक्षाचे बसके उपरांत हें नांव जाहीर जालें. उपरांत रेखा गुप्ता हांणी दिल्लीचे उपराज्यपाल व्ही.के. सक्सेना  हांची भेट घेतली आणि नवीन सरकार स्थापनेचाचो दावो केलो.हालींच दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत तांणी शालीमार बागची सुवात जिखली. तांणी 1992 वर्सा दिल्ली विद्यापिठाच्या दौलत राम कॉलेजींतल्यान एबीव्हीपी वरवीं राजकी प्रवास सुरू केलो. ती दिल्ली विद्यापीठ विद्यार्थी संघटने अध्यक्ष जाली. रेखा गुप्तान दिल्लींतल्या भाजपा महिला मोर्चाची सरचिटणीस म्हणूनय काम केलां.आज प्रतिश्ठीत रामलीला मैदानांत ती मुख्यमंत्री म्हूण सोपूत घेतली. उपराज्यपाल दनपारां 12:35 वरांचेर पद आनी गोपनीयतेची सोपूत दितले. सोपूत घेवपाच्या सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, गृहमंत्री अमित शाह आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी हेर लोक हाजीर रावपाची अपेक्षा आसा. सुमार 20 राज्यांचे मुख्यमंत्री आनी उपमुख्यमंत्र्यांकय ह्या कार्यावळीक आमंत्रित केल्यात. व्हड गर्दी जमपाची शक्यताय आशिल्ल्यान दिल्ली पुलिसांनी येरादारी सल्लागार जारी केला. कार्यावळी वेळार येरादारी वेवस्थापन करपा खातीर कांय डायव्हर्शन आनी निर्बंध लागू करतले.

---

---

जी-20 विदेश वेव्हार  मंत्र्यांचे बसकेंत वांटो घेवपा खातीर विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर आयज सावन दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्गाक दोन दिसांची भेटिर आसतले . दक्षिण आफ्रिकेचे  सहकार मंत्री रोनाल्ड लामोला हांच्या आमंत्रणाचेर ते भेटेर आसा . जी-20त विदेश वेव्हार मंत्र्याचो वांटो घेतिल्ल्यान जी-20 देशां कडेन भारताचे  संबंद घटमूट जातले आनी ह्या म्हत्वाच्या माचयेर  जागतीक दक्षिणाचो आवाजाक  बळगें मेळटले .  विदेश

वेव्हार मंत्र्यांचे बसके उपरांत मंत्री जयशंकर द्विपक्षीय बसका घेवपाची शक्यताय आसा.

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र 21 फेब्रुवारीक नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत जावपी SOUL Leadership Conclave च्या पयल्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले. भूतानाचे प्रधानमंत्री दाशो त्शेरिंग तोबगे मुखेल सोयरे म्हण मुखेल भाशण करतले. दोन दिसांचो SOUL Leadership Conclave एक प्रिमियर प्लॅटफॉर्म म्हूण काम करतलो जंय राजकारण, खेळ, कला आनी माध्यमां, आध्यात्मिक जग, भौशीक धोरण, वेवसाय, आनी समाजीक क्षेत्रां अशा विंगड विंगड मळां वयले फुडारी आपले प्रेरणादायक प्रवासाचे आदानप्रदान करतले. ह्या परिशदेंत तरणाट्या प्रेक्षकांक प्रेरणा दिवपा खातीर सहकार्याची आनी विचार फुडारपणाची एक यंत्रणा तयार जातली, जाका लागून अपेस आनी येस ह्या दोनूय प्रकारांतल्यान शिकप सुलभ जातल

---

आज सावन धावो आशिया अर्थीक संवाद आयज महाराष्ट्रांतल्या पुण्यांत सावन आयोजित जाता.आशिया अर्थीक संवाद हो परराश्ट्र मंत्रालयाचो भू-अर्थशास्त्राचेर वर्सुकी मुखेल 'ट्रॅक 1.5 संवाद' आसा. तीन दिसांचो हो संवाद पुणे आंतरराष्ट्रीय केंद्राच्या सहकार्यान सह-आयोजीत करतात. ह्या संवादाचे विशय "विखंडनाच्या युगांत अर्थीक लवचीकपण आनी पुनरुत्थान". ह्या संवादांत भूअर्थशास्त्रांतले मुखेल समकालीन विषयांचो सोद घेतले, तातूंत कृत्रीम बुद्धिमत्ता (एआय) आनी ऑटोमेशन, सायबर सुरक्षेची अर्थीक गरज, आनी हिंदु म्हासागराच्या वाठारांतल्या आनी ताचे भायर ब्लू इकॉनॉमीचे पैलूचो आस्पाव जातलो. तशेंच अर्थीक विखंडनाच्या गुंतागुंतींचेर उपाय काडप आनी लवचीकपण आनी पुनर्प्राप्ती खातीर कृतीयोग्य मार्ग वळखुपाचो हेतू आसा. आशिया अर्थीक संवाद 2025 वर्सा भारत आनी परदेशांतले राजकी फुडारी आनी वरिश्ठ सरकारी अधिकारी, शिक्षणतज्ञ, धोरण निर्माते, आनी उद्देग तज्ञ एकठांय येवन चर्चा करतले.

उत्तराखंडाचे  अर्थमंत्री प्रेमचंद अग्रवाल आयज दनपारां विधानसभेंत राज्याचें वर्सुकी अर्थसंकल्प सादर करतले. अंदूं अर्थसंकल्पाचो आकार एक लाख कोटी रुपया परस चड आसतलो, तातूंत मुखेलपणान बायलां, तरणाटे, वंचित, शेतकार, आनी मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतीचेर लक्ष केंद्रीत करतले.सामान्य लोकांक, खास करून अर्थीक नदरेन दुबळ्या वर्गांक अर्थसंकल्पाक सुटका अशें म्हणत अग्रवाल हांणी सांगलें की सरकार प्रभावी भौशीक कल्याण येवजण्यो सुरू करता. तशेंच अर्थसंकल्प सादरीकरण शांत वातावरणांत जातलें अशी आस्त तांणी उक्तायल्या.

---

प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत न्हंयांच्या पवित्र संगमांत सांजवेळा 6 मेरेन 1.08 कोटी परस चड भक्तांनी पवित्र न्हाण केले. आतां मेरेन 56.64 कोटी परस चड भक्तांनी पवित्र उदकांत न्हाण केलां. ह्या निमतान केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी पवित्र न्हाण घेवन धर्मीक विधी केले. केंद्रीय मंत्री जीतन राम मांझीन हांणीय त्रिवेणी संगमांत न्हाण घेतलें. उपरांत भारत ही भक्ती आनी संस्कृतायेची भूंय अशें मत तांणी उक्तायलें.केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणीय न्हाण घेतलें आनी प्रयागराज टर्मिनलाचो विस्तार करून महाकुंभांत येवपी पर्यटकांची संख्या वाडयल्या, जी आतां दुपेटीन वाडल्या अशी म्हायती दिली. विमानतळाची क्षमता आनीक वाडोवपा खातीर आनी गर्दीचे प्रभावीपणान वेवस्थापन करपा खातीर केंद्र सरकार विमान कंपन्यां कडेन सतत संपर्कांत आसा अशें तांणी सांगलें. तशेंच उत्तर प्रदेश काँग्रेस अध्यक्ष अजय राय, शिवसेना खासदार श्रीकांत शिंदे आनी भाजपा खासदार तेजस्वी सूर्य हांचे सयत जायत्या मानेस्तांनीय आयज महाकुंभांत वांटो घेतिल्लो.

---

अरुणाचल प्रदेशांत आयज 39वो घटक  राज्य  दीस मनयता. हो दिस राजधानी इटानगरांतल्या आयजी पार्कांत सादर करतले . राज्यपाल लेफ्टनंट जनरल केटी परनायक हे कार्यावळीचे मुखेल सोयरे आसतले. मुखेलमंत्री पेमा खंडू आनी केंद्रीय संसदीय वेव्हार आनी अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन

रिजिजूय ह्या उत्सवाक हाजीर रावपाचे आसात.अरुणाचल प्रदेशाक २० फेब्रुवारी १९८७ दिसा पुराय राज्यपद मेळ्ळें.ताचेपयलीं १९७२ मेरेन ताका ईशान्य शिमो एजन्सी अशें म्हण्टाले आनी उपरांत ताका संघराज्याचो दर्जो मेळ्ळो आनी अरुणाचल प्रदेश अशें नांव दिलें. आयज राज्याचे प्रशासकीय नदरेन 27 जिल्ह्यांनी विभागणी जाल्या आनी दरेका जिल्ह्यांनी ताच्या खाशेल्या संस्कृतीक आनी पारंपारीकपणन  योगदान दिलां.गिरेस्त संस्कृतीक दायजा खातीर नामना मेळिल्लें अरुणाचल प्रदेशांत दरेकीं 100 वयर जमातींचें घर आसून दरेकींची वेगळी वळख आशिल्ल्यान भारतांतलें एक विंगड विंगड राज्य थारता.

---

भारतांतल्या मुखेल संरक्षण जहाजबांधणी यार्डांपैकी एक गोवा शिपयार्ड लिमिटेड (जीएसएल) अबू धाबींत जावपी नावडेक्स 2025 सर्तींत आपलीं स्वदेशी  डिझायन केल्लीं फास्ट पॅट्रोल व्हीसल (एफपीव्ही) आनी ऑफशोर गस्त जहाजां (ओपीव्ही) चे प्रदर्शन करता. हीं तारवां "मेक इन इंडिया" उपक्रमांतर्गत नौदलाच्या  नवोपक्रम आनी आत्मनिर्भरतेंत भारताच्या वाढत्या क्षमतांर उजवाड घालतात. प्रदर्शनातआशिल्लें फास्ट पेट्रोल व्हेसल हें 50 मीटर लांब. 35 कर्मचाऱ्यां खातीर पुरायपणान वातानुकूलित निवासस्थानां सयत, ते आव्हानात्मक दर्या परिस्थितीक तोंड दिवपाक आनी बाह्य समर्थनाशिवाय दीर्घकाळ ऑपरेशन्स तिगोवन दवरपाक तयार केल्लआसा.

---

इझ्राएलाचे  प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहून हमासा कडेन जाल्ल्या झुजबंदीच्या दुसऱ्या पांवड्या खातीर वाटाघाटीचें फुडारपण करपा खातीर Ron Dermer हाची नेमणूक केल्या. मजगती इझ्राएलाक आयज गाझा सावन  सोडपाचे मेल्ल्या बंधकांची वळेरी मेळ्ळ्या अशी म्हायती काल प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहूच्या कार्यालयान दिल्या. आयडीएफच्या प्रतिनिधीं वरवीं बंधकांच्या कुटुंबांक कळयला . इझ्राएल चार मेल्ल्या बंधकांक घरा हाडपाची तयारी करता म्हणून हो दीस देशाक कठीण जातलो हें मान्य करून प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहून हाणी

दुख्ख उक्तायला .498 दीस बंदखणींत रावल्या उपरांत ह्या म्हयन्याचे सुरवेक आयडीएफान तीन बंधक परतून येवपाची घोशणा केली .

---

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 48 वरांत अस्तंत हिमालय प्रदेशात पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला आनी वायव्य भारतांतल्या वाठारांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . आयज जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फरबाद आनी हिमाचल प्रदेशात हलको पावस आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान कळयला.

---